मुस्लीम भावांची सगल्यात व्हडली परब आशिल्ली ‘इद उल फित्र’ची परब आयज मडगांवां उमेदीन आनी भक्तीभावान मनयली. ह्या निमतान मालभाट-मडगाव हांगाच्या जामिया मशिदीत सकाळी मुखेल प्रार्थना जाल्यो. उपरांत भाविकांनी एकमेकांक ईदाची परबी भेटयली.

ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले गोंय राज्य हज समितीचे अध्यक्ष उर्फान मुल्ला हांणी गोंय हे आदीसावन धार्मिक एकचाराचे बरे उदाहरण आसून गोंयांत कितलीशींच वर्सां मुस्लीम भाव गुण्या-गोविंदान रावतात अशी प्रतिक्रिया व्यक्त केली. ईदाची ही परब सगल्या समाजाक एकठांय हाडपी अासून संवसाराक शांती आनी एकचार हाचो संदेेश दिवपी ही परब जावन आसा अशें तांणी सांगलें.

गोंयचे राज्यपाल पी यस श्रीधरन पिल्ल ई आनी मुखेलमंत्री दो.प्रमोद सावंत हाणी गोंयकारांक खास करून मुस्लीम भावांक ईद उल फित्रा चे परबेनिमतान,शुभ प्रसंगार परबी आनी शुभकामना भेटयल्यांत.रमजान हो वायट विचार,उतरां आनी कृतीसावन पयस रावपाचो म्हयनो आसा.महम्मद पैगंबरान मोग शांतीकाय,भावपण आनी दया ह्य ईश्वरीय मुलल्यांची आमकां शिकवण दिली .ईद उल फित्र सण दर एकल्याच्ये जिणेंत खुशालकाय मोग आनी शांतीकाय घेवन येंव अशें राज्यपालानी आपल्या संदेशांत म्हळां . मजगतीं मुखेलमंत्री दो.प्रमोद सावंत हाणी मुस्लीम समाजांतल्या भावांक ईद उल फित्राची परबी भेटयली.ईद उल फित्राच्या शुभ प्रसंगार आमी सगळ्यांनी सलोखो राखून मानवी मुल्ल्यांचो आदर करूया आनी राज्याच्या विकासाखातीर काम करूया अशें मुखेल मंत्र्यांनी आपल्या संदेशांत म्हळां.

गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा संचालनालया वतीन केंद्र सरकारच्या राष्ट्रीय पशुरोग नियंत्रण कार्यक्रमा खाला ता. 1 एप्रिल 2025 सावन राज्यांत गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड लसीकरण कार्यक्रमाची अंमलबजावणी

करपात येतली. हो कार्यक्रम 30 दीस चलतलो. हेडगीं जनावरां सयत सगळ्यां गोरवांक आनी म्हसींक वासीन दिवपाचो यत्न आसतलो. जनावरांची रोग प्रतिकार शक्त तपासपा खातीर भारत सरकारान दिल्ल्या यादी प्रमाण निवडक गांवांतल्यान वासीन दिवचें पयली आनी वासीन दिले उपरांत जनावरांचो सेरा नमुनो घेतले.

तशेंच वासीन दिल्ल्या जनावरांची वळख आनी म्हायती दवरपा खातीर तांच्या कानांक टॅग लायतले. गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी हो रोग संसर्गीक आसून ह्या रोगाक लागून दुद उत्पादनात लुकसाण जाता. दुद शेतकारांनी आपल्या जनावरांक वासीन दिवपा खातीर खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक सहकार्य करपाची वनंती केल्या.

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खातें,गोंय सरकार राज्य पावंड्या वयली एड.फिल्म आनी रील तयार करपाची सर्त आयोजीत केल्या.एड.फिल्म आनी रील मेकिंगाक "गिरायक म्हळ्यार हक्क आनी जापसालदारकी"असो हें सर्तिचो विशय आसा.गोंय मनोरंजन सोसायटी ही सर्त चालीक लावपी संस्था आसतली.नोंदणी अर्ज सादर करपाची निमणी तारीक १४एप्रील २०२५ आसा.आनी चित्रपट सादर करपाची निमणी तारीक ५मे २०२५ आसा.ईयस जी कचेरींत सकाळी १० तें सांजवेळां५ वरांमेरेन अर्ज सादर करपाची वेळ आसा.अदीक म्हायतिखातीर www.esg.co.in संकेतथळाचेर भेट दीवचीअशेंगोवा मनोरंजन सोसायटिच्यामुखेल कार्यकारी अधिकार्यानी कळीत केलां.

ईद उलो फित्र मनीसकुळयेख देवाची भक्ती आनी मनशाची सेवा करपाची प्रेरणाशक्त दिता अशें सांगून ईद उल फित्रा निमतान जमात ए इस्लामी हिंदाचे प्रदेशाध्यक्ष आसिफ हुसेन हाणी सगळ्या गोंयकार भावा भयणांक ईद उल फित्राची परबी भेटयल्यांत.रमजानच्या पवित्र म्हयन्याचो संदेश आमकां जात पंत

आनी प्रदेश विचारांत घे नासतना मनीस कुळयेच्या कल्याणाखातीर कार्य करपी समावेशक समाज निर्माण करपाक खातीर मार्गदर्शक थारू अशी ताणी प्रार्थना केल्या.रमजानाचो संदेश हो देव आनी मनीसकुळयेच्या एकचाराचें प्रतीक आसा आनी मनीस कुळयेक शाततायपुर्ण आनी सुसंवादी कल्याण कारी समाजाखातीर यत्न करपाचें आपोवणे दीता.

हवामान खात्यान आयज सावन तीन एप्रील मेरेन पावसा खातीर येलो एलर्ट जारी केला.हवामानांत जाल्ल्या बदलाक लागून फुडले चार दीस पावस पडपाची शक्यताय आसा.काल आयतरा अदिंमदीं दमट हवामान जातालें.मार्चात आदींच तापमान वाडीक लागून उबाळ जाता.हाका लागून २० मार्च मेरेन तापमान वाडीचो येलो एलर्ट आशिल्लो.मात अचकिंत हवामानांत बदल जालो आनी २५ मार्चाक चडश्या वाठारांनी पावस शिडशिडलो.ते उपरांत पावसाचो मेलो एलर्ट सुरु जाल्लो.आयज सोमाराक वराक ३०ते ४०किमी गतीन खुबश्या वाठारानी वारो मारपाची शक्यताय आसा.काल मूरगांवा सगळ्यांत चड ३३.४ अंश सेल्सियस तापमानाची नोंद जाल्ली.जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २६.३ अंश सेल्सियस आशिल्लें.ओदिशा तें केमरून मेरेनचो उण्या दाबाचो पट्‌टो आतां छत्तीसगड,तमीळनाडू,सयत म्हाराष्ट्र आनी कर्नाटकांत पावला.हाका लागून पावसाची दाट शक्यताय आसा.आतांमेरेन १ मार्च उपरांतचो आडवेळो पावस ५.९ मिमि जाला.

गोंयचे प्रतिभावान न्यायाधीश म्हूण नामना मेळिल्ले मुंबय उच्च न्यायालयाचे निवृत्त न्यायाधीश एव्हरीक सांतान दा सिल्वा हांच्या कुडीचेर आयज मडगांवां निमणे संस्कार जाले. २८ मार्च ह्या दिसा तांकां दुखेस्त मरण आयिल्ले. मरणावेळार तांची पिराय ९२ वर्सां आसली.

आयज बड्डे-मडगांव हांगाच्या तांच्या घराकडल्यान तांची निमणी यात्रा भायर सरली. उपरांत मडगावच्या होली स्पिरीट इगर्जेत निमणी प्रार्थना जाली. उपरांत मडगावच्या शिमितरीत तांची कूड मातयेक लायली. ह्यावेळार वेगवेगळ्या स्तरांवयले मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

10 मे 1933 दिसा गोंयांत पोर्तुगेज राजवटींत सिल्वाचो जल्म मडगांवां जालो. पोर्तुगालांतल्या नामनेच्या कोयंब्रा विद्यापीठांतल्यान तांणी कायद्याची पदवी मेळयली. 1957 वर्सा पोर्तुगेज राजवटींत फोंड्याचे खाशेले न्याय दंडाधिकारी म्हणून तांची नेमणूक जाल्ली. गोंयचे सुटके उपरांत ताची पयल्या दर्ज्याचो न्यायीक दंडाधिकारी म्हणून नेमणूक जाली. ते उपरांत ते एक एक पावंडो वयर चडत मुंबई उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश जावपामेरेन पावली मारली. एक निपक्षपाती आनी न्यायाच्या चौकटींतल्यान सगळ्यांक न्याय दिवपी न्यायाधीश म्हूण तांणी आपली प्रतिमा तयार केल्ली.

राज्यांतल्यो सहकारी संस्था एकाच पाख्याखाला हाडून सिंगल एप पोर्टल लिंकावरवीं गोंय राज्य सहकारी संस्थेकडेन संलग्न करून संस्थांचो वेव्हार सामको पारदर्शक करतले तशेंच रिणांचो परतावो फावो तें पध्दतीन जावचो हें खातीरय खाशेलें लक्ष दितले अशें मुखेलमंत्री दो.प्रमोद सावंत हाणी सांगलें.नाव्हेलेच्या सत्तरी मल्टिपरपज कोअपरेटिव्ह सोसायटिच्या १४ व्या फांट्याच्या उक्तावण सुवाळ्यांत मुखेलमंत्री उलयताले.व्हिजन दवरून काम करतना सहकाराच्या माध्यमांतलयान समुह शेतीचो प्रयोग सुरू करपाखातीर स्टार्ट अपच्या लोकांक वांगडा घेवन वेगवेगळ्या वेवसायांत योगदान दियत सहकार माध्यमांत समृध्दी हाडची अशें आश्वासन मुखेल मंत्र्यांनी केलें.मुखेलम्ंत्र्यांचे हस्तुकीं सत्तरी मल्टिपरपज कोअपरेटिव्ह सोसायटिच्या नावेली फांट्याचें उक्तावण जालें.

फाटल्या चार वर्सांत रस्तार भीक मागपी 75 ल्हान भुरग्यांची सुटका केल्या आनी तांका अपना घरांत धाडल्यांत. कांय जाणांक दुसरे राज्यांत तांचे मुळ गावांत धाडून तांचे कुटुंबाच्या ताब्यांत दिल्यात. 2024त सगळ्यांत चड 40 भुरग्यांची सोडवणूक केल्या, अशी म्हायती बायल आनी भुरगीं उदरगत खात्यान दिल्या. विधानसभेच्या पटलार लेखी जाप दितना बायल आनी भुरगीं उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी ही म्हायती दिली.

राज्यांतल्या विंगड विंगड भीक मागपाचे सुवातेर उत्तर आनी दक्षीण गोंयच्या जिल्लो भुरगी संरक्षण युनीटान भुरगीं कल्याण समिती, भुरगीं हक्काचे संरक्षणा खातीर गोंय राज्य आयोग आनी पुलिसांच्या मजतीन खुबशे जोड मोहीम हातांत घेतल्या. भुरगीं हॅल्पनायन ही सरकारांत विलीन करून हे 24 वरां हेल्पलायनीचेर भुरगीं भिक मागपाची प्रकरणां नोंद जाता आनी कर्मचारी रोखडीच ताची दखल घेता.

भुरग्यांची सोडवणूक जाले उपरांत तांची भलयाकी आनी सुरक्षा निश्चित करपा खातीर भुरग्यांची जिल्लो इस्पितळात वैजकी चांचणी जाता. भुरगीं कल्याण समितीच्या आदेशा उपरांत तांका अपना घरांत धाडटात. काय प्रकरणांत भुरग्यांक तांचे मुळ गावांत धाडटात आनी गरज पडल्यार तांकां आपले कुटुंबा बरोबर परत मेळोवन दितात. भुरग्यांक तांचे मुळ गावांत धाडले उपरांत तांचे पुर्वसन आनी जीर्णाध्दार जावचो म्हूण भुरगीं कल्याण समिती हे प्रकरण त्या भुरग्यांच्या मुळ गांवच्या संबंधित भुरगीं कल्याण समिती कडेन धाडटा.

2019 ते 2023 ह्या पांच वर्सांत दक्षता संचालनालयान 96 कागाळी निकालांत काडटना वट्ट 15 अधिकाऱ्यांक निलंबीत केल्यात. 2023 वर्साच्या निमाणे मेरेन दक्षता संचालनालयांत 73 कागाळी प्रलंबीत आशिल्ल्याची म्हायती अर्थीक सर्वेक्षण अहवालांत दिल्या.

2019 ते 2021 ह्या तीन वर्सांत कागाळी निकालांत काडपा वांगडा आरोपपत्र दाखल करपाचें प्रमाण चड आशिल्लें. पूण 2022 आनी 2023 वर्सा कागाळी निकालांत काडपा वांगडाच आरोपपत्र दाखल करपाचें प्रमाणय उणें जालां अशें आंकडेवारींतल्यान स्पश्ट जाता.

दक्षता संचालनालयान 2019 वर्सा 38, 2020 वर्सा 17, आनी 2021 वर्सा 28 कागाळी निकालांत काडिल्ल्यो. 2022 वर्सा फकत 5 आनी 2023 वर्सा 8 कागाळी दक्षता संचालनालयान निकालांत काडल्यात.

आरोपपत्र दाखल करपाचो विचार केल्यार, 2019 ते 2021 मेरेन आरोपपत्र दाखल करपाचे प्रमाण चड आशिल्ले. 2022 आनी 2023 ह्या दोन वर्सांत ते प्रमाण उणे आसा. दक्षता संचालनालयान 2019 वर्सा 38, 2020 वर्सा 17, आनी 2021 वर्सा 28 कागाळींत आरोप पत्र दाखल केल्यात. 2022 वर्सा 5 आनी 2023 वर्सा 8 कागाळींनी आरोपपत्र दाखल केल्यात.

2019 ते 2023 मेरेन 15 अधिकारी निलंबीत केल्यात. 2022 वर्सा 10 अधिकारी निलंबीत केल्यात. 2019 वर्सा दोन अधिकारी आनी 2020, 2021, आनी 2023 वर्सा दरेकीं एक अधिकारी निलंबीत केलां. दक्षता संचालनालया कडेन नव्यो कागाळीं येवपाचोय आंकडो उणो जाला. आदल्यो कागाळी प्रलंबीत आशिल्ल्यान वर्साचे अखेरेक प्रलंबीत कागाळींचो आंकडो वाडत आसा. ही म्हायती अर्थीक सर्वेक्षणाच्या अहवालांतल्यान मेळ्ळयां.

-----------